Panaji Regional 5th May 2025 7.25am

शिरगांवां - 110

शिरगांवां जी घडणूक घडली ती सामकी दुर्दैवी आशिल्ली. जात्रेक प्रशासन तशेंच भावीक, भक्त धोंड ह्या सगल्यांनी योग्य तरेन लक्ष दिवप गरजेचें. ह्यान फुडें ते विशीं सरकार विशेश काळजी घेवपाचे नदरेन म्हत्वाचीं पावलां उबारतले अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें.

शिरगांवां जाल्ले खेटाखेटींत मरण आयिल्ले सुर्या मयेंकार हांच्या कुटुंबीयांक मुख्यमंत्री येवन मेळे. ह्या वेळार तांणी सगले तरेची मजत करतलों अशी गवाय दिली.

सरकारान जी धा लाखांची मजत जाहीर केल्या, ती बारा दिसां उपरांत तांकां दितले अशेंय मुख्यमंत्र्यान म्हणलें.

जात्रेक धोंड आनी भाविकांनी योग्य तरेन जतनाय घेवप गरजेचें. हे नदरेन प्रशासनूय आतां चड सक्षमपणान लक्ष दिवन, तशेंच म्हत्वाचे निर्णय घेतना, असल्यो घडणुको केन्नाच घडच्यो न्हय हाची जतनाय घेतलें, अशें तांणी सांगलें.

Rane – 110

गोंय वैजकी म्हाविद्यालयांत वचून शिरगांव लयराय जात्रा घडणुकेंत जखमी जाल्ल्या दुयेंतींक भेट दिवन तांच्या प्रकृतीचो नियाळ घेतलो अशे भलायकी मंत्री विश्वजित राणे हाणी सांगला. तांच्या उपचारांत सामकी जतनाय घेवपाचे निर्देश जीएमसींतल्या वैजकी पंगडांक आपणे दिल्या. अपडेटा प्रमाण पांच गंभीर दुयेंतीं पैकी तीन दुयेंतींनि सुदारणा दिसून येतात, जाल्यार बाकीचे दोग गंभीर पूण स्थिर आसात.

आमी जीएमसींत कोड रेड गोवा सक्रिय केला, हो एक आपत्कालीन प्रोटोकॉल जाचे खाला वरिश्ठ दोतोरांचे गट आनी डीन हांच्या फुडारपणा खाला सगळे क्लिनीकल एचओडी एकठांय येवन गंभीर दुर्येती खातीर बेगोबेग, सामुहीक निर्णय घेतात, जाका लागून बेगीन आनी चड समन्वयात्मक प्रतिसाद मेळटलो अशे राणे हाणी सांगले. आम्ही कोड रेड गोवा बेगोबेग लागू करतले आणि ते अधिसूचित करतले अशे तांणी मुखार म्हळें.

Pernem - 65

फाटल्या कितल्याशाच म्हयन्यां सावन तुयें पंचायत वाठारांत बिबट्याक लागून भंयाचें वातावरण पातळिल्लें. तांणी जायत्या घरांतल्या सुण्यांक, माजरांक खाल्लीं. तशेंच्या गायेच्या वासरांकूय तांणी खाल्ल्यान ह्या सगळ्या वाठारांत भंय निर्माण जाल्लो.ह्या बिबट्याचो बंदोबस्त रान खात्यान करचो हाका लागून लोक मागणी करताले. ते प्रमाण रान खात्यान तुयेंच्या कृष्णा नायक हांच्या घरा लागसारा पांजरो घालो. तातूंत काल रातीं हो बिबटो आडकलो. रान खात्याच्या ह्या येसाक लागून हांगाच्या लोकांनी समाधान उक्तायलां.

ICAR – 120

जीनोम-वर्धित भाताच्यो जाती विकसित करपी  भारत सवसरतलो पयलो  देश ठरला. कृषी मंत्री शिवराज सिंह चौहान हाणी भारतीय कृषी संशोधन परिषद-आयसीएआरन विकसित केलल्या भाताच्या  दोन जातींचे अनावरण केले. नवी दिल्लींत आयोजीत केल्ल्या कार्यावळींत श्री चौहान हांणी प्रकल्पा कडेन संबंदीत आशिल्ल्या शास्त्रज्ञांक परबीं दिवन देशाक आपल्या शेतकी शास्त्रज्ञांच्या क्षमतायचेर विस्वास आसा अशें सांगलें. भारताची उदरगत करपाच्या प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या संकल्पांत हें संशोधन एक वाट चिरो थारतलें अशें तांणी सांगलें. वाडत्या लोकसंख्येच्यो  पोशण गरजो भागोवपा खातीर देशांत उत्पादन वाडोवपाची गरज आसा अशें कृशी मंत्र्यांनी  सांगलें.

भाताच्यो  हयो दोनूय जाती फकत शेतकारांक न्हय तर सामान्य लोकांकय फायदेशीर आसात अशें तांणी सांगलें. आंध्र प्रदेश, बिहार, उत्तर प्रदेश, तेलंगणा, कर्नाटक, तमिळनाडू, छत्तीसगड, महाराष्ट्र, अस्तंत बंगाल आनी मध्य प्रदेश हया राज्याखातीर हयो जाती विकसित  केल्यात.

Weather – 40

गोय वेधशाळेनं उक्ताययल्ल्या अदमासा प्रमाण आज राज्यांत चडान चड  तापमान ३५  degrees सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान २८ degrees सेल्सिअस इतले आसतले.  फुडलें सात दिस  राज्याच्या उत्तर आणि दक्षिण  जिल्ह्यांनि चडान चड  तापमान ३४-३६ degrees सेल्सिअसच्या मजगती आसपाची शक्यताय आसा.

IPL – 45

आयपीएल क्रिकेट सर्तींत काल रातीं धर्मशाळात जाल्ल्या खेळांत पंजाब किंग्सन लखनौ सुपर जायंटसक  37 धांवड्यांनी हारयलो. आणीक एका खेळांत कोलकाता नाईट रायडर्सन राजस्थान रॉयल्सक एका धावडयांन हारयलो. आयज हैदराबादांत सनरायझर्स हैदराबाद आनी दिल्ली कॅपिटल्स हांचे मदीं मॅच जातली. सांजवेळा 7:30 वरांचेर मॅच सुरू जातली.